# पुर्वोत्तरी आनी अस्तंती भारतीय काव्योत्सव

## साहित्य अकादेमी वतीन उर्बे उमेदीन आयोजन

**खबरां मेज, पणजी**

साहित्य अकादेमी वतीन एप्रील 20 आनी 21 तारखेक साकोर्ड्डें सूर्लाच्या नेचर्स नॅस्टांत पुर्वोत्तरी आनी अस्तंती भारतीय काव्योत्सव कार्यावळ घडयली.

20 तारखेक सकाळीं 10 वरांचेर जाल्ल्या उकतावण सत्रांत साहित्य अकादेमीचे सचीव के श्रीनिवासराव हांणी येवकाराचें उलोवप केलें. कोंकणी सल्लागार मंडळाचे निमंत्रक भूषण भावे हांगेल्या येजमानपणा खाला चलयिल्ले कार्यावळींत गुजराती सल्लागार मंडळाचे निमंत्रक विनोद जोशी हांणी सुरवातीचें उलोवप केलें. नामनेचे कोंकणी कवी प्रकाश पाडगांवकार हांणी उकतावणाचें भाशण केलें. बोडो सल्लागार मंडळाचे निमंत्रक अनील बोडो हे खाशेले सोयरे म्हणून हाजीर आशिल्ले. साहित्य अकादेमीचे कार्यावळ अधिकारी ओम प्रकाश नागर




**साहित्य अकादेमी वतीन सूर्ल नेचर्स नॅस्टांत घडयिल्ले पुर्वोत्तरी आनी अस्तंती भारतीय काव्योत्सवाचें उकतावण सुवाळ्यांत अकादेमीचे सचीव के श्रीनिवासराव येवकाराचें उलोवप करतना. कुशीक भुषण भावे आनी हेर मानेस्त.**

हांणी उपकार मानले.

1145 ते 1345 मेरेन जाल्ल्या पयल्या सत्रांत आसामी आनी बोडो कवितेचीं परंपरा ह्या विशयाचेर उलोवप जालें. मराठी सल्लागार मंडळाचे निमंत्रक रंगनाथ पठारे हांगेल्या अध्यक्षताये खाला जाल्ल्या सत्रांत बिपुल देवरी (आसामी) आनी आदाराम बसुमतारी (बोडो) हांणी प्रपत्रां सादर केलीं. सौरव सैकिया (आसामी), रश्मी चौधरी (बोडो), चौला दोशी (गुजराती) आनी रुजारियो पिंटो (कोंकणी) ह्या कवींनी आपआपणाल्यो कविता आवयभाशेंत आनी हिंदी वा इंग्लीश भाशेंतूय वाचल्यो.

दुसरें सत्र 1430 वरांचेर आरके भूबोनसिंह हांगेल्या अध्यक्षते खाला जालें. मराठी आनी मणिपुरी कवितेचीं परंपरा ह्या विशयाचेर उलोवप जालें. केशव देशमुख (मराठी) आनी प्रेमचन्द्र सिंह (मणिपुरी) हांणीं प्रपत्रां सादर केलीं. रितुराज वसुमतारी (बोडो), मुकेश जोशी (गुजराती), रमेश घाडी (कोंकणी) एस प्रल्हाद (मणिपुरी), दिकबीर (डिकू), मुखिया (नेपाळी) ह्या कवींनी आपआपणाल्यो कविता वाचल्यो.

तिसरें सत्र सांजे 1630 वरांचेर सुरू जालें. नेपाळी आनी सिंधी कवितांची परंपरा ह्या विशयाचेर बिआर उप्रेती (नेपाळी) आनी खिमन मूलाणी (सिंधी) हांणी प्रपत्रां सादर केलीं. लक्षमण दुबे हांणी येजमानपण चलयलें. अजित गोगोई (आसामी) दिलीप धारगळकार (कोंकणी), लकमण महाडिक (मराठी) आनी हरीश करमचंदाणी (सिंधी) ह्या कवींनी आपआपणाल्यो कविता सादर केल्यो.

21 तारखेक सकाळीं 10 वरांचेर जाल्ल्या चवथ्या सत्रांत गुजराती आनी कोंकणी कवितेचीं परंपरा ह्या विशयाचेर उलोवप जालें.

कोंकणी लेखक आरएस भास्कर अध्यक्ष आशिल्ले. अजयसिंह चौहान (गुजराती), राजय पवार (कोंकणी) हांणी प्रपत्रां सादर केलीं. अशोक कोतवाल (मराठी), आरके भूबोनसिंह (मणिपुरी), गणेश गजमेर (नेपाली), नारी लछवाणी (सिंधी) ह्या कवींनी आपआपणाल्यो कविता सादर केल्यो.

ह्या दिसांनी साहित्य अकादेमीच्या पुस्तकांचें प्रदर्शन आनी विक्रीय बी आशिल्ली.